Panaji

Regional News

25 dec 2025,7.20pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी

फाटल्या 11 वर्सां सावन आपलें सरकार समाजांतल्या दरेका नागरिकाच्या बरे खातीर कश्ट घेता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. तांणी फुडें सांगलें की आपलें सरकार तांकां कसलोच भेदभाव करिनासतना येवजण्यांचे सगळे तरेचे फायदे दिता जें खरो शासन आनी खरो धर्मनिरपेक्षता.आदले प्रधानमंत्री भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या 101व्या जयंती निमतान लखनौ हांगा भौशीक रॅलीक संबोधीत करताले. स्वतंत्र भारताच्या दिग्गजांच्या दायजाचो भोवमान करपा खातीर बांदिल्ल्या लखनौ हांगा राष्ट्र प्रेरणा स्थानाचें उक्तावण प्रधानमंत्री हांणी केलें.सरकारी येवजण्यांचें संतृप्ती हें आपल्या सरकाराचें बोधवाक्य आनी आतां कोट्यांनी गरीब नागरिकांक तांचो फायदो मेळटा अशें आपल्या भौशीक संबोधनांत प्रधानमंत्र्यान सांगलें.भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयीचो उगडास करून प्रधानमंत्री हांणी सांगलें, आपूण जायते उपक्रम केल्यात जाका लागून देशाची उदरगतीची परिस्थिती बदलली. तांणी खासा करून प्रधानमंत्री ग्राम सदक येवजणेच्या उपक्रमाचेर उल्लेख केलो आनी 2000 वर्सा उपरांत हे येवजणे खाला 8 लाख किमी.परस चड रस्ते बांदले, तातूंतले फकत फाटल्या 11 वर्सांत 4 लाख किमी

घवळी वखदाआड जागृताय मोहीम

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणावतीन फाल्या 26 डिसेंबराक सांजे 5 वराचेर पर्वरी हांगच्या उच्च न्यायालय इमारतीत घुवळी वखता आड जागृताय मोहिमेचो शुभारंभ जातलो. भारताचे सरन्यायाधीश सूर्यकांत हे मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. ही जागृताय मोहीम एक महिनो म्हंजे 30 दिस चलतली. मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश चंद्रशेखर, प्रशासकीय न्यायाधीश महेश सोनक तशेच हेर न्यायाधीश आनी आदोवगाद कार्यावळीक हाजीर आसतले. राज्यात तशेच हेर कडेन घुवळी वखदांचो वापर वाडत आसा. घुवळी वखदा घातक आशिल्यान ताचे सेवन बंद जावचे, हे हेतान कायदो सेवा प्राधिकरणातर्फे ही जागृताय मोहीम सूरू जातली. खासा करून तरणाट्यामदी घुवळी वखादांचे सेवन करपाचे प्रमाण चड आसा.

## गोयात नातालाची परब उमेदीन मनयली

मडगाव : पुराय गोया वांगडा दक्षिण गोयांतय नातालाची परब मोठ्या उमेदीन आणि भक्तीभावान मनयली .मडगाव तसेच हेर कडेन ह्या निमित्तान वेगवेगळया गावांतल्या इगर्जानी रातच्या १२ वरांचेर मिस जावन येशू ख्रिस्त जन्माची घोषणा पाद्रीनी केली. उपरांत भाविकांनी एकामेकाक नातलाच्यो पर्बी भेटयल्यो.

दक्षिण गोयांत ह्या निमतान वेगवेगळया सुवातानी येशू ख्रिस्त जन्माचे देखावे केल्ले आसून लोक ते पळोवांक गर्दी करतात.

नाताळाच्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लोकांक येवकार दिला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सगळ्यांक शांती, करुणा आनी आशेन भरिल्लो नाताळाचो आनंद दिवन सांगलें. जेजू क्रिस्ताच्या शिकवणेक लागून समाजांत एकचार घट जातलो अशी आस्त ताका आशिल्ली.

## संसाद खेल

संसाद खेल महोत्सवांतल्यान देशाक हजारांनी प्रतिभावान खेळगडे मेळटात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान संसाद खेळ महोत्सवाक संबोधीत करतना श्री मोदी हांणी सांगलें, संसाद खेळ महोत्सवाचें प्रमाण खूब वाडलां आनी ताचो परिणामूय खूब वाडला. तरणाट्यांच्या उदरगतींतल्यान राष्ट्रनिर्माणाच्या मंत्रान हो खेळां महोत्सव एक घटमूट खांबो जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. जिखप आनी हारपा परस ह्या खेळां वरवीं खेळगडे शिकतात ती खेळगडीपण आनी नितळ खेळपाची भावना सक्षम आनी शिस्तबद्ध तरणाट्यांची उदरगत करपाक योगदान दिता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. तांणी म्हणलें, हे सक्षम आनी शिस्तबद्ध तरणाटे राष्ट्राचो फुडार बांदतात.

## फातर्प्याँ श्री शांतादुर्गा कुंकळ्ळीकरीण देवीचे जात्रेक सुरवात

मडगाव: गोयांतल्या नामनेच्या जात्रेमदली एक आशिल्ल्या फातर्पे हांगाच्या श्री शांतादुर्गा कुंकळ्ळीकरीण देवीचे जात्रेक आयजसावन सुरवात जाली. ३० डिसेंबर मेरेन ही जात्रा चालू असतली.

आज सकाळी देवीच्यो विधी करून ही जत्रा सुरू जाली. जत्रेच्या पाचुय रातीनी देवीची वेगवेगळया तरेच्या रथातल्यान मिरवणूक जातली. हे जात्रे निमतान लाखांनी भाविक फातर्पा हांगा येवन देवीचे दर्शन घेतले.

## वीर बाल दिस

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान भुरग्यांक ओपिल्लो राष्ट्रव्यापी उत्सव म्हणून 26 डिसेंबर 2025 दिसा वीर बाल दिस आयोजीत केला.ह्या उत्सवांत देशभरांत सप्तकभर कार्यावळी चलतल्यो. 26 डिसेंबर, 2025 दिसा मुखेल कार्यावळ जातली जाका प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावतले.दरेक शाळेंन ह्या सातकभरांत वीर बाल दिस उत्सवां निमतान चित्रकला, सृजनशील लेखन, गिन्यानाचेर आदारिल्ले खेळ, कथा सांगप आनी पुस्तक वाचपाचे सत्र, वादविवाद, स्किट, भुमिका-नाट्य, घोशणा-लेखन सर्ती, रॅली, गट चर्चा, जागृताय संदेश प्रसार करपी खेळ आनी फिटनेस कार्यावळी आदी कार्यावळीं आयोजीत करच्यो अशे राज्य शिक्षण संचालनालयान मागलां.

## 27 वी बाल संगीत परिशद.

कलासागर सांस्कृतीक केंद्र आनी कला आनी संस्कृती संचालनालयान 26 वर्सां चलत आयिल्ली 27 वी बाल संगीत परिशद 1 जानेवारी 2026 दिसा शिरोडा बाजारांत जातलीं. मुखेल सोयरे म्हूण, उदका संसाधन आनी सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर, माच्येर हाजिर आसतले. ह्या कर्यावलिक खाशेले सोयरे, म्हून नविन वेंचून आयिल्ली जिला पंचायत वांगडी डॉ गौरी शिरोडकर, सरपंच पल्लवी शिरोडकर, आनी आदले जिला पंचायत वांगडी नारायण कामत हाजिर आसतले. गोंयच्या वेगवेगळया वाठारांतले बाल कलाकार हे कार्यावळींत आपली कला सादर करतले, तातूंत श्रुष्ति गोवेकार, लक्ष् कालेकर, अभिनव नायक, मृगया सरदेसाय, हर्ष

गांवकर, श्रेया कासंबेकार, दिशा सरदेसाय, दिव्या शिरवयकर, मयंक नायक, समर्थ भट, ओम गांवस, स्वामीनी नायक, मंजीरी नायक, शिवम नायक, पीयूष नायक, अंश नायक, सार्थक नायक हांचो आस्पाव आसा. ह्या मेळाव्यांत गांवांतल्या, कलासागरांतल्या विद्यार्थ्यांक, तशेंच धालमाया मंडळ करमणे आनी आर्य समाजिक आनी संस्कृतीक संस्थांचो भोवमान जातलो. संस्थेचे अध्यक्ष नितीन जांबलीकार हांणी सगळया विद्यार्थ्यांक,

अप्रेन्टीशिप मेळो

राज्य कुशळटाय संचालनालयान पणजेत 30 डिसेंबराक प्रधानमंत्री अप्रेटीशिप मेळयाचे आयोजन केला. हो मेळो आल्तीनो हांगा 30 तारकेक सकाळी 9.30 वराचेर सूरू जातलो. आयटीआय उत्तीर्ण तशेच हेर तरणाट्यानी सकाळी 9 वराचेर हाजेरी लावन नावनोंदणी करची. राज्यासयत राज्याभायल्यो कंपन्यो प्रशिक्षणार्थिंची निवड करपा खातीर मेळाव्याक हाजेरी लायतल्यो.

गोंय शालान्त मंडळान

गोंय शालान्त मंडळान मार्च २०२६ धावेच्या परीक्षेचे अंतीम वेळापत्रक जाहीर केले. अंदूंची धावेची परिक्षा १३ मार्च २०२६ सावन सुरू जातली. पयली ही परिक्षा २ मार्च सावन सुरू जावपाची आसली. मुख्याध्यापक संघटणेच्या मागणेक लागून शालान्त मंडळान ही परिक्षा फुडें धुकलपाचो निर्णय घेतला. १३ मार्चाक इंग्लीश पेपर जातलो. ४ एप्रीलाक निमणो जॉग्रफी आनी इकोनॉमीक्स विशयाचो पेपर जातलो. हाचे उपरांत काय तंत्रीक विशयांचे पेपर जातलें. सकाळी साडे णव वरांचेर पेपराक सुरवात जातली. विद्यार्थ्यांनी सकाळी ९ मेरेन परिक्षा केंद्रांचेर पावप गरजेचें आसा. वेळापत्रक सगळया विद्यालयांनी धाडला.मजगती शालान्त मंडळान णवेच्या परीक्षेचे वेळापत्रक जाहीर केला. णवेची परिक्षा ४ मार्च ते १२ मार्च २०२६ मेरेन जातली.

नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत आयज जाल्ल्या कार्यावळींत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी संथाली भाशेंत संविधान जाहीर केलें. ह्या वेळार उलयतना अध्यक्षान सांगलें की, संविधान आतां संथाली भाशेंत, ओल चिकी लिपींत बरयल्लें, हें सगळया संथाली लोकांक अभिमानाची आनी खोशीची गजाल. ताका लागून तांकां आपले भाशेंत संविधान वाचपाक आनी समजूंक मेळटलें अशें तिणें सांगलें.